15/03/2026 प्रादेशिक खबरो 7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

- भाजपा हो देशाक प्राधान्य दिवपी आनी 'अंत्योदय' तत्वाचेर विस्वास दवरपी पक्ष आसा अशें राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेत तनावडे हांणी सांगला.
- गोयच्या फोंडा मतदारसंघा जावपा आशिल्ली पोटवेंचणूक 9 एप्रिलाक जातली अशे वेंचणूक आयोगान जाहीर केलें.
- केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान 'पीएनजी आनी 'एलपीजी' ह्यो दोनूय जोडणी आशिल्ल्या घरांक रोखडेंच आपले एलपीजी जोडणी रद्द करपाचे निर्देश दिल्यात
- गोंयच्या कोंकणी आनी मराठी लेखकांनी तयार केल्ल्या गोंयच्या उच्च दर्जाच्या साहित्याच्या अणकारांक आदार दिवपाच्या हेतान 'कोंकणी भाषा उदरगत येवजण अंदुच्यान सरकार चालीक लायतली.
- महाविद्यालय पांवड्यार राज्यभरांतल्या पदवीधर विद्यार्थ्यां मदीं घटमूट संशोधन बुन्याद तयार करपाचो उपक्रम 'PRAYOG' राज्य सरकार शिक्षण खात्यावरवी चालीक लायतले

भाजपा हो देशाक प्राधान्य दिवपी आनी 'अंत्योदय' तत्वाचेर विस्वास दवरपी पक्ष आसा अशें राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेत तनावडे हांणी मांद्रे हांगा. पं. दीनदयाल उपाध्याय प्रशिक्षण महाअभियानांतर्गत आयोजित कार्यशाळेच्या उक्तावणं वेळार स्पश्ट केलें. कार्यकर्त्यांनी 2047 मेरेन भारत हो संवसारांतलो 'नंबर एक' विकसीत देश करपा खातीर आनी केंद्र आनी राज्य सरकारांच्या लोक कल्याण येवजण्यो तळागाळांतल्या नागरिकां मेरेन पावोवपा खातीर काम करचे अशे आवाहन ताणी केलें. ह्या वेळार ताणी 'नारी शक्ती वंदन' मोहिमेक लागून बायलांक दिल्ल्या 33 टक्के आरक्षणाचो खासा उल्लेख केलो. मांद्रे मतदारसंघांतल्या भाजपा कार्यकर्त्यांच्या निस्वार्थी वावराची आदले आमदार दयानंद सोपटे हांणी तोखणाय केली. ह्या कार्यावळींत मांद्रे भाजपा मंडळाचे पदाधिकारी आनी कार्यकर्ते व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले.

पांच राज्यांचें आनी एका केंद्रीय प्रदेशाचें वेंचणुकेची घोषणा कर्पाखातीर आयज दिल्लींत केंद्रीय वेंचणूक आयोगान बसका घेतली . आसाम, केरळ, पुडुचेरी आनी तमिळनाडूंतली विधानसभा वेंचणूक एकाच पावन्ड्यार जातली. जाल्यार अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणूक दोन पावन्ड्यार जातली अशें केंद्रीय वेंचणूक आयोगान आयज जाहीर केलें. आयज दिल्लींत ह्या पांच राज्यांचें आनी एका केंद्रीय प्रदेशाचें वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर करतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश

कुमार हांणी सांगलें, आसाम, केरळ आनी पुडुचेरीत 9 एप्रीलाक जाल्यार तमिळनाडूत 23 एप्रीलाक वेंचणूक जातली. अस्तंत बंगालांत फुडल्या म्हयन्याच्या 23 आनी 29 तारखेक मतदान जातलें. अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या टप्प्यांत 152 जाल्यार दुसर् या टप्प्यांत 142 विधानसभा सुवातीनी मतदाना जातले.
इतले मजगती गोयच्या फोंडा मतदारसंघा जावपा आशिल्ली पोटवेचणूक 9 एप्रिलाक जातली अशे वेंचणूक आयोगान जाहीर केलें . ह्या सगल्या राज्यांतल्या मतदानाची मतमेजणी 4मेक जातली . वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर करपा वांगडाच ह्या राज्यांनी आनी संघराज्यांत 'आदर्श आचारसंहिता' आयच्यान लागू केल्या अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्तनी सांगलें.

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान 'पीएनजी आनी 'एलपीजी' ह्यो दोनूय जोडणी आशिल्ल्या घरांक रोखडेंच आपले एलपीजी जोडणी रद्द करपाचे निर्देश दिल्यात. खंयच्याय व्यक्तीककडे पीएनजी कनेक्शन आसल्यार ताका घरगुती एलपीजी कनेक्शन दवरपाक मेळचें ना आनी सरकारी तेल कंपनीं कडल्यान वा तांच्या अधिकृत वितरकां कडल्यान एलपीजी सिलिंडरांचें रिफिल करपाक मेळचें ना तशेच अशे पीएनजी कनेक्शन आशिल्ल्या व्यक्तींक फुडाराक नवे एलपीजी कनेक्शन मेळचें ना अशें जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत मंत्रालयान सांगलां.
मजगती भारताच्या राजनयिक यत्नांक लागून इराणान भारताच्या दोन एलपीजी वाहक वाहकांक होरमुझ सामुद्रधुनींतल्यान वचपाक परवानगी दिल्या. आतां हीं तारवां गुजरातांतल्या मुंद्रा आनी कंदला बंदरां कडेन वचपाक लागल्यात अशें जहाज येरादारी मंत्रालयाचे खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी सांगलें.
ह्या तारवांनी सुमार ९२,७०० टन एलपीजी व्हरतात आनी १६ वा १७ मार्चाक भारतीय बंदरांनी पावपाची शक्यताय आसा
इतले मजगतीं आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची जोड सचीव सुजाता शर्मा हांणी नागरिकांनी एलपीजी सिलिंडर बुक करपाक धांवपळ करची न्हय आनी गरज पडल्यारच बुकिंग करचें अशें आवाहन केलें.

बायलांक शारिरीक आनी मानसीक सशक्त करपा खातीर सत्तरी तालुक्यांत बेगीनूच स्वताची राखण प्रशिक्षणाची पायलट प्रकल्प सुरू जातली अशें डॉ दिव्या राणे हांणी जाहीर केलां. आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा होंडा पंचायतींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ती उलयताली.
सत्तरींतल्या तरणाट्या चलयांक आनी बायलांक प्रमाणीत प्रशिक्षकांनी आत्मरक्षणाचे धडे दितले.
काल विधानसभेंत सादर केल्ल्या थारावाचेर डॉ.

एनसीईआरटी चौकटीचेर आदारीत: हें प्रशिक्षण एनसीईआरटीच्या अभ्यासक्रमाच्या अनुरूप आसतलें, जाका लागून विद्यार्थ्यांक रचणुकेच्या पद्दतीन कुशळटाय मेळोवंक मेळटली. बायलांचेर विस्वास निर्माण करप आनी तांकां सगळया मळार निर्भयपणान हालचाल करपाक मेळची हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत. सत्तरींत हो 'पायलट प्रकल्प' येसस्वी जाले उपरांत फुडाराक राज्यभर अशें मॉडेल चालीक लावपाची शक्यताय आसा. हें बायलां सशक्तीकरणाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल मानतात.

गोंयकार साहित्यकारांनी कोंकणी आनी मराठी भाशेंत तयार केल्लें उच्च दर्जाचे साहित्य हेर भाशांनी अणकारीत करून राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवडवार गोंयकार साहित्य दाखोवपाची गरज आसा. ते खातीर गोंयच्या कोंकणी आनी मराठी लेखकांनी तयार केल्ल्या गोंयच्या उच्च दर्जाच्या साहित्याच्या अणकारांक आदार दिवपाच्या हेतान 'कोंकणी भाषा उदरगत येवजण अंदुच्यान सरकार चालीक लायतली. हे येवजणेखातीर सराकरान 10 लाख रुपयाची तजवीज केल्या. हे शिवाय 'राजभाशा प्रसार' येकजणेखातीर 10 लाख रुपयांची तजवीज केल्या. तशेंच नेमान मराठी आनी कोंकणींत नेमाळीं उजवाडावपी प्रकाशकांक फायदो जावचो म्हूण सद्याचे 'राजभाषा अक्षर मित्र' येवजणेंत योग्य रितीन बदल करपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हालीच सादर केल्लया अर्थसंकल्पात दिल्या.

कोंकणीं आणि मराठीतल्यान हेर भाशांनी साहित्याचो अणकार लोकप्रिय करपा खातीर म्हज्या सरकारान 70 परस चड नवोदित अणकारप्यांक प्रशिक्षण दिला. ह्या अर्थीक वर्साय हेच कार्यक्रम चालू उरतले. तशेंच सुमार 891 केंद्रीय कायद्यांचो कोंकणी तशेंच मराठी भाशेंत अणकार जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा मराठी अकादमी, गोवा कोंकणी अकादेमी, गोवा दाल्गादो कोंकणी अकादमी आदी वेगवेगळया संस्थाक आदार दिवपाच्या हेतान जीं भास आनी साहित्याच्या प्रचाराक वावुरतात, तांचेखातीर वट्ट 7 कोटी रुपयांची तरतूद सरकारान अंदु वर्साच्या अर्थसंकल्पात केला. महत्वाचे दिसपट्टया प्रसासनात कोंकणी बाशेचो उपेग चडान चड करपाक सरकार महत्व दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ह्या अर्थिक वर्सात राजभास खात्याक 15.5 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

महाविद्यालय पांवड्यार संशोधन आनी नवनिर्माण घटमूट करपा खातीर राज्यभरांतल्या पदवीधर विद्यार्थ्यां मदीं घटमूट संशोधन बुन्याद तयार करपाचो उपक्रम 'PRAYOG' राज्य सरकार शिक्षण खात्यावरवी चालीक लायतले. उच्च शिक्षण खात्यावरवी जावपी प्रयोग ह्या उपक्रमावरवी संशोधन पद्दत, शिक्षणीक लेखन, आनी दर्जेतार संशोधन पड़ींत structured प्रशिक्षण दितले.

हे शिवाय उच्च शिक्षण संस्थांनी संशोधन क्षमता आनीक घटमूट करपा खातीर, Fund Connect' हो उपक्रम चालीक लावपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ह्या उपक्रमावरवी प्राध्यापक आनी विद्यार्थ्यांक संशोधन निधी मेळपाक आनी आणि घटमूट संशोधन प्रकल्प उबारपाक मदत जातली. शिक्षण मळाचो पांवडो आनी उच्च करच्या हेतान 'Academic Excellence Scheme उपक्रम सुरु करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ह्या येवजणेचो प्राथमिक उद्देश गोंयच्या विद्यार्थायंक विशइश्ट विशयाचेंर खोलायेन गिन्यान मेळोवपाची संद दिवप, प्रभावी शिक्षणशाश्त्र तयार करप आनी शिक्षणिक आनी संस्थाच्या सहकार्यान संशोधन वाडवप असो आसा. हे येवजणेवरवी वेगेवगळ्या उच्च शिक्षण सस्थांकडल्यान आनी निवडक विशयांत वेंचुन काडिल्लया विद्यार्थ्यांकiit goa, nit goa आनी हेर मान्यताय मेळिल्लया संस्थांनी प्रशिक्षण आनी internship खातीर नेमणुक करतले.

राज्यातल्या सगळ्या विशश शाळाक घटमूट करपाच्या हेतान नवी व्यापक Children with Special Needs येवजण सुरु करपाचो प्रस्ताव सराकरान अंदुच्यान दवरला. आनी ताका लागून विशेश शाळाक अतिरिक्त सुविधा मेळटल्यो. Dona paula हांगा goa college of pharmacy, goa college of homesciences, goa college of fine arts, goa college of music, goa college of Architecture and Goa College of Education अशीं ६ कॉलेजी आस्पावन घेवपी इंटिग्रेटेड कॉलेज कॉम्प्लेक्स 'महाविद्यालय संकुल बांदपाचे काम अंदूच्यांन सुरु जातले. जाल्यार ह्या अर्थसंकल्पात शिक्षण खात्यांक वट्ट 3,439 कोटी रुपयांची तजवीज केला.

आयकर खात्यान 2026-27 वर्साच्या मुल्यांकना खातीर ‘आगाऊ कर ई-मोहिमे’ खाला करदात्यांक धाडिल्ल्या कांय ई-मेला संबंदी स्पश्टीकरण जारी केलां. कांय करदात्यांक अशे ई-मेल मेळ्ळयात अशी म्हायती खात्यान एका निवेदनांत दिल्या. तातूंत चालू आशिल्ल्या आगाऊ कर ई-मोहिमेचो एक भाग म्हूण ‘म्हत्वाच्या वेव्हारा संबंदी’ म्हायतीचो चुकीचो उल्लेख केला. हो प्रस्न

सोडोवपा खातीर सक्रीयपणान वावुरता आनी तोमेरेन करदात्यांनी हे मोहिमे संबंदीत आदल्या ई-मेलांक नदरआड करपाची मागणी खात्यान केल्या .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.7 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २६.००औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.५ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २५.०० औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत ह्वामान सुकें आसतले

गोवा सुपर लीग फुटबॉल सरतित क्लब द साळगाकर पंगडान शापोरा युवक पंगडाचेर ३-१ गोल फरका न मात केली.हा खेळ काल वागातोर मैदानावर जालो . जाल्यार बाणावलीत जाल्या गोवा रिलीगेशन लीग सर्दीत गोवा पोलिस संघाने चर्चिल ब्रदर्सवर १-० अशे जैत जोडले.